गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>तियात्र अकादेमीन नामनेच्या तियात्रिस्तांक पूरस्कार भेटयले</u>**

ता. २५ ऑक्टोबर २०१९

०३ कार्तिक १९४१

गोंय तियात्र अकादेमीन आयज संस्कृती भवनात आयोजीत कार्यक्रमात उदका स्त्रोतमंत्री श्री. फिलिप नेरी रॉड्रिग्स हांचे हस्तूकीं नामनेचे तियात्रिस्त श्री. लुईस मारयान फर्नांडिस, श्री. आंतोन रेमेदीओ फर्नांडिस आनी श्री. फ्रांसिस कार्दोज हांका २०१९ वर्सांचे खेल तियात्र पुरस्कार भेटयले.

हे वेळार उलयताना श्री. रॉड्रिग्स हांणी म्हणले, तियात्र हो गोंयच्या लोकांमदी लोकप्रिय आसून ते लोक जागृतीचे बरे परिणामकारक माध्यम आसा. तियात्र माध्यम मनशाच्या दिसपट्टे जीणेचेर प्रभाव पडपी विशयाचेर उजवाड घालता. ज्या मनशानी तियात्राची बुन्याद घातली तांची दखल घेवपा वांगडाच युवा कलाकारांक उर्बा दिवपाची गरज आसा.

तांणी तियात्रिस्तांक आपल्या माध्यमातल्यान समाजाक सत्य आनी योग्य मार्गदर्शन करपाचो उलो मारून आयची तरणाटी पिळगी तियात्राकडेन आकर्शीत जाता हे बऱ्याचे लक्षण आशिल्ल्याचे तांणी म्हणले.

हे वेळार मंत्र्याहस्तूकीं पुरस्कार जैतवंत तियात्रिस्तांच्या योगदानाची म्हायती दिवपी पुस्तीकेचे विमोचन केले.

पुरस्कार जैतवंत श्री. फ्रांसिस कार्दोज हांणी आपले मनोगत व्यक्त केले.

आमदार श्री. चर्चिल आलेमांव, श्रीमती आंतोनेत मोरायस, श्रीमती कार्मिन रॉड्रिग्स आनी तियात्रमोगी कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.

सुरवेक कला आनी संस्कृती खात्याचे उपसंचालक श्री. अशोक परब हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. कार्यक्रम अधिकारी श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. तियात्र अकादेमीचे वांगडी सचीव श्री. सिझर डिमेलो हांणी निमणे उपकार मानले.

पुरस्कार भेटवण सुवाळ्या उपरांत कॉम. जोआना आनी तांच्या पंगडान कोंकणी संगीत कार्यक्रम सादर केलो.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ७४१

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,

NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA